# सुभाष फळदेसाय हांचे हस्तुकीं केपे हांगा चतुर्थी बाजाराचे उक्तावण

ता. 24 ऑगस्ट 2022

गिरायकांचो विस्वास मेळोवपा खातीर आप मजत पंगड आनी थळाव्या कारागिरांनी आधुनिक पद्दत आनी तंत्राचो वापर करून आपल्या उत्पादनांचो दर्जो वाडोवपाचो उलो समाज कल्याण मंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय हांणी मारलो. फळदेसाय आयज केपे हांगा स्वयंपूर्ण चतुर्थी बाजाराचे उक्तावण केले उपरांत उलयताले.

स्वयंपूर्ण चतुर्थी बाजार हो राज्य सरकारान सुरू केल्लो एक बरो उपक्रम आसून थळावे कारागिर आनी आप मजत गटांच्या महिलांक आपली उत्पादना विकपाक सुविधा उपलब्ध जाल्या. ह्या उपक्रमातल्यान खास करून ग्रामीण वांठारांतले लोक खऱ्या अर्थान स्वयंपूर्ण जावपाक मदत जातली. आप मजत गट आनी कारागिरांनी उत्पादनाचो वेपार आनी पॅकिंग करपाची खुशळटाय शिकून घेवपाक जाय. उत्पादन वा वस्तुचो दर्जो आनी पॅकिंग आकर्शित आसले जाल्यार ते गिरायकांक आवडटले आनी बरो वेवसाय जातलो, अशें सांगून श्री. फळदेसाय हांणी नेत्रावळी हांगा कुणबी हस्तकला ग्राम सुरू करपाचो राज्य सरकाराचो विचार आसा आनी ह्या ग्रामात कुणबी साडी, शॉल आनी हेर हस्तकला वस्तु आनी उत्पादना विकपाक आसतली, अशेंय तांणी सांगलें.

गोंय अटल ग्राम विकास एजन्सीचे अध्यक्ष श्री. सुभाष वेळीप हांणी स्वयंपूर्ण चतुर्थी बाजाराक लागून ग्रामीण वांठारांतल्या लोकांक आपल्या उत्पादनांच्या विक्रीतल्या बरो फायदो जातलो, अशें संगलें.

स्वयंपूर्ण चतुर्थी बाजार 30 ऑगस्ट मेरेन भरतलो. तशेंच 29 आनी 30 ऑगस्टाक गोंयांत साबार कडेन खास माटोळेचो बाजार भरतलो.

केपे नगरपालिकेच्यो नगराध्यक्षा श्रीमती सुचेता शिरवयकर, अटल ग्राम विकास एजन्सीचे प्रकल्प संचालक श्री. विजय सक्सेना आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/490

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji